# राबित्याची सुविधा दिवपी हॉटेल आस्थांपनांची डाटाबेस

ता. 30 सप्टेंबर 2020

भारत सरकाराच्या पर्यटन मंत्रालयान कोवीड-19 महामारीक लागून देशातल्या हॉटेल उद्देगांची राष्ट्रीय डाटाबेस तयार करपाचो निर्णय घेतला. अशां डाटाबेस माहिती वरवीं देशात राबित्याची सेवासुविधा दिवपी हॉटेल आस्थापनांनी भलायकी आनी सुरक्षा उपायांची अंमलबजावणी करून देखरेख दवरप शक्य जातले. डाटाबेस तयार करपाक नोंदणी करपा खातीर http://nidhi.nic.in/ ह्या पोर्टलाचेर भेट दिवची.

गोंय सरकाराच्या पर्यटन खात्यान आतामेरेन राबितो सेवासुविधा दिवपी वट्ट 3094 आस्थांपनांची माहिती वयल्या पोर्टलाचेर अपलोड केल्या.

तशेंच जागृताय करून गिरायकांमदी भरवंसो निर्माण करून गिरायकांक आदरातिथ्य क्षेत्राकडेन आकर्शीत करपा खातीर भारत सरकाराच्या पर्यटन मंत्रालयान आदरातिथ्य उद्देगाखातीर मोलावणी, जागृताय आनी प्रशिक्षण यंत्रणा विकसीत केल्यात. अशां यंत्रणांक लागून उद्देगाचो वेवसाय परत सुरू जावपाक मदत जातली. ह्या यंत्रणेकडेन स्वयंप्रमाणिकरणा खातीर www.saathi.qcin.org ह्या पोर्टलाचेर भेट दिवची.

राज्यांतल्या सगळ्यां नोंदणीकृत राबितो हॉटेल आस्थापनांच्या नोंदणी खातीर पर्यटन खात्यान परिपत्रक धाडला. चड म्हायती खातीर खात्याच्या 0832-2437317 ह्या हेल्पलायन नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/512

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA